# पुरातत्व खात्याची वेबसायट सुरू

ता. 4 मार्च 2024

समाज कल्याण, पुरातत्व आनी पुराभिलेख मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय हंणी आयज पर्वरी सचिवालयात आयोजीत कार्यक्रमात पुरातत्व खात्याच्या अधिकृत वेबसायटीचो शुभारंभ केलो. ह्या वेळार उलयताना श्री. फळदेसाय हांणी खात्याच्या ह्या वेबसायटीक लागून लोकांक गोंयची संरक्षित स्मारकां आनी थळां तशेंच पुरातत्व खात्याच्या येवजणो आनी कामा संबंदीत म्हायती उपलब्ध जातली. तशेंत खास करून पर्यटकांक आनी इतिहासाची आवड आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांक इतिहासिक म्हत्व आशिल्ल्या थळांक भेट दिवपाक आनी थळांच्या इतिहासाचो अभ्यास करपाक मदत जातली, अशेंय तांणी सांगलें.

सुरवातीक गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या विद्यार्थ्यांनी तयार केल्ल्या ह्या वेबसायटीत म्हायती तंत्रज्ञान खात्यान कांय दुरूस्ती करून वेबसायट पुर्ण केली.

ह्या वेळार पुरातत्व खात्याचे संचालक श्री नीलेश फळदेसाय आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

https://archaeology.goa.gov.in/ ह्या वेबसायटीचेर लोक भेट दिवपाक शकतात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/150

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.